CS (MAIN) Exam:2016

M-ESC-CU-KKN

# कोंकणी / KONKANI

## (अनिवार्य) / (COMPULSORY)

*काल मर्यादा : **तीन वरां***
*Time Allowed : **Three Hours***

*चडावत गूण : **300***
*Maximum Marks : **300***

**प्रस्न-पत्रिके संबंदान जथापथ अनुदेश**

***प्रस्न–पत्रिकेंतल्या प्रस्नाचें उत्तर बरोवपाचो येत्न करचे पयलीं, कृपा करून मुखार दिल्लो एक एक अनुदेश जतनायेन वाचून घेयात :***

*प्रस्न–पत्रिकेंतल्या प्रत्येक प्रस्नाचें उत्तर बरोवंचे पडटलें.*

*प्रत्येक प्रस्नाक कितले गूण दवरल्यात म्हणपाची संख्या, त्या त्या प्रस्नाचे निमाणेक दिल्ली आसा.*

*शेकी प्रस्न–पत्रिकेंत हेर तरेचो अनुदेश दिल्लो नासत जाल्यार, प्रत्येक प्रस्नाचें उत्तर निखटे **कोंकणी भाशेंत** आनी **देवनागरी लिपींत** बरोवंचे पडटलें.*

*जंय प्रस्नाचें उत्तर बरोवपा संबंदान उत्तरांची संख्या निश्चित केल्ल्याचो अनुदेश दिल्लो आसा, थंयसर त्या अनुदेशाचे पालन करचेंच पडटलें. नेमून दिल्ले शिमे–मेरेपरसय उत्तरांची चड वो उणी लांबाय जाल्ली आसत जाल्यार गूण वजा करचे पडटले.*

*एकाद्र्या प्रस्नाचें उत्तर बरोवन जातकच प्रस्न-सह-उत्तरपत्रिकापुस्तिकेंत जी सुवात मेकळी उरतली, ती तुमचे तुमीच ठसठशीतपणान आडी मारून भरून काडची पडटली.*

**QUESTION PAPER SPECIFIC INSTRUCTIONS**

***Please read each of the following instructions carefully before attempting questions :***

*All questions are to be attempted.*

*The number of marks carried by a question is indicated against it.*

*Answers must be written in **KONKANI (Devanagari script)** unless otherwise directed in the question.*

*Word limit in questions, wherever specified, should be adhered to and if answered in much longer or shorter than the prescribed length, marks may be deducted.*

*Any page or portion of the page left blank in the Question-cum-Answer Booklet must be clearly struck off.*

**Q1. सकयल दिल्ल्यां विशयांतल्या खंयच्याय एका चेर सुमार 600 (सशें) उतरांनी निबंद बरयात : *100***

(a) संस्कृतीचे म्हत्व आसा व्हय ?

(b) शारां स्मार्ट, पूण नागरीक मात अडाणी

(c) न्यायीक सक्रीयतावाद आनी न्यायीक उचंबळ

(d) आमचें दायज सांबाळपा खातीर इश्कोलांतल्या भुरग्यांक प्रोत्साहन दिवप.

**Q2. सकयल दिल्लो उतारो चत्रायेन वाचात आनी ताचेर विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो तुमच्या उतरांनी बरयात : *12×5=60***

अशें म्हणटात की अर्द्या मळबाचेर बायलांचे साम्राज्य आसा. हाचेर समजिकायेन चिंतून अशेंय म्हणू येता की हाचे परस अधिक प्राप्त करपा इतल्यो त्यो अधिकारिणी आसात तरी पूण इतिहासाचेर नदर भोंवडायल्यार मतींत येता की पुराय विश्वांत, सगळ्या काळांत, संस्कृतींत आनी परंपरेंत तिका उणीच लेखल्या. धर्म, जात, वर्ग, श्रेणी, वंश, वर्ण, विविधतायेच्या भूतकाळांत वा वर्तमानांत बायलांक, दादल्या परस उणीच लेखल्या. जेवण, कार्य, शिक्षण स्वास्थ्य आनी उदरगत तशेंच खंयच्याय वावरीत वांटो घेवपाची संद, ताचे नेतृत्व तिका मेळना. आपणालीं सपनां साकार करपाचो अधिकार आजूनय तिच्या हातांत ना. हांगा भेदभाव आसाच तो सर्वव्यापी संदर्भांत, अशेंय म्हणूंक येता. खऱ्या अर्थांन ती विश्व-मळार 'अल्पसंख्यांक' आसा, अशें म्हळयार अतिताय जावंची ना.

आमचो पितृसत्ताक समाज (patriarchy) तिका आपली वेगळी वळख सांबाळपाक मजत करना. तशेंच तिका, ती एक पुराय व्यक्तिमत्व आसा, अशेंय हो पितृसत्ताक समाज मानपाक तयार ना. तेचपरी आपणालो आत्मसम्मान आनी स्वायत्तताय (autonomy) आसा, समाजीक व्यवस्थेंत तिका समान अधिकार आसा कायद्यांत, समाजीक संस्थेंतय तिका समान पावंड्याचेर लेखूंक जाय. पितृसत्ताक समाज तिका ती निखटी एक वस्त कशी मानता. एक आवत वा उपकरण (instrument) रूपांतच तिका समाजांत सुवात मेळटा. आपणालो वंश वाडोवपाक, यौन तृप्तीचे साधन ह्या रूपांत पुरुश प्रधान समाज तिका लेखता. तांची सांस्कृतीक स्वीकृती म्हळयार एका दादल्यांची चली घरकान्न वा आवय इतलें मेरेनच उरता. इतलें सोडत जाल्यार ताची वेगळी अशी कांयच वळख ना. अस्तित्त्वच ना. तें आसल्यारय तिका समाजांत वो संस्कृतींत मान ना. आपलो घोव, कुटुंब सोडून तिका समाजीक वा सांस्कृतीक मान मेळना. हीच वास्तवीकताय आसा, ते सत न्हयकारूंक जावचे ना.

Single women अर्थात एकल बायल आसत जाल्यार ती अस्तुरी हे समाजीक आनी सांस्कृतीक मर्यादेंत बसना. ह्या कोंडाळयांत स्वीकृती कोणाक मेळटा, जी लग्नाचे पिरायेची आसा पूण लग्न जावंक ना, वा विधवा आसा, वेगळी रावता तियेच स्वीकार जाता. जी आपणाल्या बळग्यार रावंक सोदता तिका पुरुश आपणावंकच पावना. कितली विचित्र मानसीकताय ही समाजाची ? सामाजीक, सांस्कृतीक राखणदारांची ? पुरुशाक दिसता की बायलेन एकली रावंकच फावना. तिका आपणाले अस्मितायें वांगडा सन्मानान जियेवपाचो अधिकार आसा हें मानून घेवपाक दादलो तयारच ना.

उदरगत करूंक सोदनी चडशा देशांत 60 ते 80 टक्के बायलो खाणां-जेवणाचे उत्पादन करतात. विश्वाचो विचार केल्यारय हो आंकडो हेंच सुचयता की उत्पादन क्षमता पळयल्यार तो मानय बायलांक मेळूकच जाय. सांस्कृतिक रूपान जर विचार करीत जाल्यार घरांत जेवण कोण रांदता ? चड करून बायलोच. जेवण जेयता आसताना तिका मात खूब फावटीं जाय तितलें खाण मेळना. काय फावटीं तर साप्पच मेळना. कांय घरांनी जेवण-खाण आसल्यारय पोशण-युक्त जेवण तांकां लाबना.

भारत देशांत दादल्यां परस बायलांची संख्या उणी आसा. जनसंख्येंत तांची टक्केवारी देंवतच आसा. 2001 ची जनगणना (census) चे आंकडें दाखयतात की 1000 दादले तर 933 बायलो आसात. शेकी चली आनी बायल हांका समान जीणेचो संद लाबत जाल्यार, तेचपरी स्वास्थ्य आनी पोशण मेळळ्यार हें प्रमाण समान जातलें. देखीक 1000 दादले तर 1000 बायलो. शेकी 2011 ची जनगणना पळयल्यार हें प्रमाण 1000 दादले आसल्यार बायलो 940 जाल्यात. हुसको करपा सारकी गजाल अशी की 2001 त चले आनी चल्यो हांचे प्रमाण देंवलें म्हळ्यार तें 1000 – 927 अशें जालां. 2011 च्या जनगणनेंत हें आनीकय देंवून तें 1000 चे तुलनेंत 914 चेर पावलें. हे आंकडेच दाखयतात की सामाजीक, सांस्कृतीक विसंगतीक लागून तशेंच तंत्रगिन्यानाचो गैरवापर करून आमच्या समाजानच आपणाल्या पांयार फातर मारून घेतला. आमच्यांनी अशेंय म्हणू येता की भारतीय समाजांत नित्यनेमान लाखांनी चल्यो आनी बायलो मरत रावल्यात.

(a) जनगणनाचे आंकडे चलयांच्या आनी बायलांच्या संदर्भांत कसलो संदेश दितात ? *12*

(b) जेवण-खाण आनी बायलो हांचे विशींची दिसपी असमानताय हातूंत विडंबना कशी दिसता ? *12*

(c) 'अर्द्या मळबाचेर बायलांचे साम्राज्य आसा' ह्या कथना वरवीं लेखक कितें सांगूंक सोदता ? *12*

(d) पितृसत्तात्मक समाजांत कशे तरेन बायलो निखटे एक आवत वा उपकरण जालां ? *12*

(e) लेखकाच्या मत्तान आमच्या समाजांतली एकल स्त्री कशे कशे तरेन त्रासांत पडू येता ? *12*

**Q3. मुखार दिल्ल्या उताऱ्याचो लांबायेच्या मानान एक-तृतियांश भागांत सारांश बरयात. थारायिल्ल्या लांबायेपरस हो आपरोस आसचो न्हय, ना जाल्यार गूण उणे जातले.** ***60***

निश्ठावान आसप म्हळयार आदरणीय जावप ह्या मत्ताचेर आमचे मदले चडशे जाण सहमत जातले – आमच्या घराण्याकडेन, आमच्या इश्टांकडेन, आमच्या देशकडेन – खऱ्यांनी सांगचे जाल्यार साबर व्यक्तींकडेन आनी पंगडा-चोम्याकडेन ज्या कारणांपास्वत निश्ठावान आसूंक फाव, तांचेकडेन निष्ठावान आसत जाल्यार ते निश्ठेक आमीं योग्य आनी बरें मानतात. आनी जेन्ना आमीं 'निश्ठे'च्या संबंदान उलयतात तेन्ना त्यो साबार व्यक्ती जेन्ना संकश्टांत, वो विघ्नांत, वो सतत आपणाल्या सूख-समाधानांत रावपाच्या सुवार्थांत आसतना मजत करपाचे सिद्धतेंत आसपाचे वृत्तीक ओखेयतात.

जेन्ना एकाद्री व्यक्ती, देखीक, आपणाल्या पालकांक, तांच्या हाल-उपाघ्राविशीं कसलीच जायणी दाखयनासतना तांका त्रासांत धुकलता, वो आपणाल्याच देशांतल्या इश्टा-सांगात्यांक ताळतंत्र सोडून हेरांच्या सैन्यदळांत रावन जिवानशी मारूत वडयता-तेन्ना ती निश्ठाहीन द्रोही आसा म्हणपाचें स्पश्टच जाता. अशा लोकांक आमच्यांतल्या चडावत जाणांकडसून अस्वीकृतीच लाबता.

अशें आसूनय कांय फावट अशी परिस्थिती निर्माण जाता, जेन्ना एकाद्री व्यक्ती निश्ठाहीन द्रोही आसा वो ना म्हणपाची गजाल मांडप व्हडा कश्टाचे जाता. एकाद्रें बुद्धिमान बाळक आपणाल्या पालकांच्या काळजाथावन केल्ल्या उल्यावरवीं जाल्ले तायणेसावन पयस रावन अभ्यास बंद करून तांका अर्थीक साह्य करपापास्वत चाकरी-वेवसाय करूंक विरोध करूंक लागता. तेचपरी फुडारांत आपणाल्या पालकांच्या कश्टाचे रीण, आपणे अभ्यास करपाचो वावर चालंत दवरीत जाल्यार, बेस बरे तरेन फारिक करूंक पावतलों आनी आतां आपूण आडावत उरत जाल्यार आपणाली कळाशी इबाडटली आनी आपूण केन्नाच कोणाचीच सेवा करूंक पावचो ना म्हणपाचे हे गजालीचेर ताचो भावार्थ आसता.

जांची सर्जनाची तांक पुराय ना, असो लोक अशा चल्याच्या वो चलयेच्या निर्णयाचो धिक्कार करीतय बी; परंत असलेंच बाळक, तें अंतरात्म्याक मानपी आनी संवेदनाशील आसत जाल्यार, ताका मजत आनी प्रोत्साहन, न्हय टिका, मेळूंक फाव. दुसरे वटेन, कांय विशिश्ट परिस्थितींत, शेकीं, देखीक, त्या चल्याचे पालक अतिदारिद्र्यांत आसत जाल्यार ताणे बाळगिल्ल्या भावार्थाक आडनदर करून ताका निश्ठाहीन द्रोही मानपी लोक मेळटलो, कित्याक तर त्या चल्यान आपणाल्या पालकांक मजत करपाचे सुवातेर चाकरी-वेवसाय करिनासतना तो शिकूंक सोदता, शेकीं फुडारांत जैतवंत जातलो म्हळल्यारय आतां तो निश्ठाहीन द्रोहीच थारतलो, आनी ताचे संबंदान ताका पश्चातापय जावं येता.

हे देखीपरसय व्हडली समस्या म्हळयार, काय फावटी आपणाल्या देशाच्या शासनयंत्रणे कडेन आशिल्लो नाते-संबंद. देशाचेर प्रांजलपणान मोग करपी लोकांचो एक समुदाय आपणाल्या देशाची तरतर-उदरगत आनी धादोसकाय हांचे संबंदान हुसक्यांत पडिल्लो आसता, जो देशाचे शासनयंत्रणे आउ बंड-कुट करूंक सोदता, घडुये तो हातांत हत्यार घेवन, कित्याक तर समकालीन शासनयंत्रणा ही देशाक बऱ्याक पडपी न्हय असो ताचो भावार्थ आसता, आनी ती हेर तरेन तिची उलथापालथ करप शक्यच ना अशें ताका दिसता. रोखडया-रोखडो तो समुदाय 'विद्रोही' 'देसघातकी' आसा म्हणपाची मखलाशी शासनयंत्रणा करता; आनी शेकी पयलें संबोधन पुराय योग्य आसल्यारय, दुसरे संबोधन तशें आसतच अशें म्हणू नज. कित्याक तर तो समुदाय देशांतल्या इश्टा-सांगात्यांक ताणीं निश्ठा ओंपिल्ली आसता, न्हय ताच्या देशांतले शासनयंत्रणेक.

दुर्भाग्य अशें की असलो विद्रोह देशाचे निश्ठेक लागून उप्राशिल्लो आसता वो सुवार्थी हितसंबंदांतल्यान, हें तो विद्रोह फळादीक जायसर होलमना. म्हणटकच प्रस्न उप्रासता तो असो : आतां हे विद्रोही जैतवंत जाल्ले आसात, आनी ताणीं नवे शासनयंत्रणेची मांडणीय केल्या, त्या आदाराचेर पुराय जनता-धरून राजकीय शत्रू-हांका उण्यात उणे अधिकार आसात – देखीक आपणाल्या मत्तांच्या संबंदान मुक्तपणान उलावपाचो, आनी जनतेचो तेंको संपादन करपाचो – म्हणपाची गजाल ह्या जैतिवंत विद्रोहींची शासनयंत्रणा मानून घेतली व्हय ? वो ते आपणाल्या राजकीय शत्रूंचो नाश करपापास्वत आपणाली सत्ता कार्यरत करतले ? शेकी ते पयल्या प्रस्नाचो मान दवरीत जाल्यार, ते सत्पणान आपणाल्या देशाचे निश्ठावान आसात अशें म्हणूंक जाता, न्हय निखट्या आपणाल्या समुदायाचे हितसंबद पळोवपी. परंत शेकी दुसऱ्या प्रस्नाकडेन तांचो संबद आसत जाल्यार, जे शासनयंत्रणेक ताणी काडून वडयलें तिचेकडेन सोडातच, ताच्या देशाकडेनय. तांची निश्ठा ना, अशें म्हणपाची पाळी येतली. खर सत्य इतलेंच की वस्तुस्थिती सुस्पश्ट जायसर भौच कळब लागिल्लो आसतलो. *(लागीं लागी 560 उतरां)*

**Q4. सकयल दिल्लो उतारो इंग्लेजींत अणकार करात :** ***20***

एक पावट एक व्हडलो अमीर – गिरेस्त मनीस बोटीर आपल्या बावरा खातीर वतालो. ताच्या वांगडा कांय गुलामय बोटीर अशिल्ले. एक गुलाम पयलेच पावट बोटीचो प्रवास करतालो. अकस्मात आकांताचे मोडण आयलें. हो गुलाम बाबडो व्हडल्या व्हडल्यान हुयेली मारूक लागलो. सगळयांनी ताका परपरत समजायलें पूण ताच्यो हुयेली थांबल्यो नात. हें सगळें भौच कळाव जालो तरी चलत

राविल्लें म्हूण त्या अमीराक आयलो राग. ताणें सगळयांक विचारलें – 'हे बोटीर कोण आसा जो ह्या गुलामाक शांत करूं शकता ?'

दुसऱ्या यात्रिकां वांगडा बोटीर एक तत्त्वगिन्यानीय प्रवास करतालो. ताणें सांगलें, 'म्हाका दिसता हांव हें काम करूं शकतां.' पूण ताणें अमीराक सांगलें की म्हाका तुमी परवानगी दियात, हांव म्हजें रितीन त्या गुलामाक ओगी करतां. अमीरान म्हळें 'म्हजी परवानगी आसा तुका.'

त्या तत्त्वगिन्यानी मनशान कांय तारवट्याक आफयलें, आनी तांका सांगलें 'ह्या गुलामाक धरून दर्यांत उडयात'. उदकांत पडटकूच तो गुलाम हात-पांय मारूंक लागलो. ताका सामकें नाका-पूरो जातालें. थोड्या वेळान ताका उदकांतल्यान भायर काडलो. तो भियेंत भियेंत बसलो आवाज काडी नासताना. अमीर हे पळोवन धादोशी जालो. ताणें त्या तत्त्वगिन्यानी मनशाक कारण विचारलें – ताणें जाप दिली – जो मेरेन आमीं अरिश्टांत पडना तो मेरेन आमकां कळना की आमीं कितलीं बरी परिस्थितींत जियेताले.

**Q5.** **सकयल दिल्ल्या उताऱ्याचो कोंकणींत अणकार करात :** ***20***

Man has always been fascinated by dreams. He has always tried to find explanations for his dreams. Perhaps dreams tell us about the future or the past, perhaps they tell us about our deepest fears and hopes. I don't know. Today, I want to give you a completely different explanation. But before I do so, I must give you one or two facts about dreams. First of all, everybody dreams. You often hear people say, 'I never dream,' when they mean, 'I can never remember my dreams.' When we dream, our eyes move rapidly in our sleep as if we were watching a moving picture, following it with our eyes. This movement is called 'REM', that is Rapid Eye Movement. REM sleep is the sleep that matters. Experiments have proved that if we wake people up throughout the night during REM, they will feel exhausted the next day. But they won't feel tired at all if we wake them up at times when they are not dreaming. So the lesson is clear : it is dreaming that really refreshes us, not just sleep. We always dream more if we have had to do without sleep for any length of time.

If that is the case, how can we explain it ? I think the best parallel I can draw is with computers. After all, a computer is a very primitive sort of brain. To make a computer work, we give it a program. When it is working, we can say it is 'awake'. If ever we want to change the program, that is to change the information we put into the computer, what do we do ? Well, we have to stop the computer and put in a new program or change the old program.

**Q6.** **(a)** **सकयल दिल्ल्या म्हणींचो अर्थ बरयात :** *2×2=4*

(i) संशयी मन सांवळेक भिता. *2*

(ii) पेजेक आनी लजेक पडना. *2*

**(b)** **वाक्प्रचारांचो अर्थ बरोवन त्या वाक्प्रचारांचो वाक्यांत उपेग करात :** *2×3=6*

(i) मरणाची घडी तेंकप *2*

(ii) सावचीत जावप *2*

(iii) कच्च जावप *2*

**(c)** **विरोधी अर्थ बरयात :** *1×5=5*

(i) व्हांवतें *1*

(ii) चकचकीत *1*

(iii) रडकुरें *1*

(iv) मंदी *1*

(v) मान *1*

**(d)** **समानार्थी शब्द बरयात :** *1×5=5*

(i) बेसांव *1*

(ii) बरोवपी *1*

(iii) नासाडी *1*

(iv) प्रेसांव *1*

(v) भारावप *1*

**(e)** **सकयल दिल्ल्या जोड्यां मदलो वाक्य-प्रयोग असो बरयात की तांच्या मदलें अर्थांतर स्पश्ट जातलें :** *3×5=15*

(i) मुददे फोडप – तोंड फोडप *3*

(ii) स्वस्त जावप – स्वस्थ रावप *3*

(iii) घाण करप – घाण दवरप *3*

(iv) चुरो खावप – चुरो करप *3*

(v) मार बसप – मार घालप *3*

(f) सकयल दिल्ल्या उतरांची एकवचनी रूपां बरयात : $1\times5=5$

(i) अस्तुऱ्यो 1

(ii) संवयो 1

(iii) स्फोट 1

(iv) फावटी 1

(v) खाणां 1